PANAJI REGIONAL 6th April 2026 @ 7.25 am DEVASHRI

नमस्कार, आकाशवाणी पणजी प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं dk तुमका प्रादेशिक खबरो दिता

**GANESH**

फोंडा पोटवेंचणुकेत पोस्टल मतदाना खातीर नोंदणी केल्ल्या 176 मतदारां पयकी EKSHE EKYATTR जणांनी मतदानाचो हक्क पुराय केला, अशी माहिती वेचणूक अधिकाऱ्यांन दिली.
आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त रवी नायक हांचे मरणाक लागून फोंडा मतदारसंघाखातीर 9 एप्रिलाक मतदान जातले. काँग्रेस, भाजप तशेच आपाकडल्यान पोटवेंचणुके खातीर नेटान प्रचार सूरू आसा.
दिव्यांग, जान्टे तशेच वेंचणूक ड्युटेर आशिल्ले पोलीस तशेच हेर सरकारी कर्मचाऱ्यां खातीर टपाल पद्दतीन मतदान करपाची व्यवस्था आसता. हे खातीर अर्ज भरून नोंदणी करप आवश्यक आसता. PANCHYAYSHI वर्सां परस चड पिरायेच्या जाण्टे आशिल्ल्या EKSHEBARA जाणानी मतदान केला. दिव्यांग फाट्यात नोंदणी केल्ल्या EKONTIS मतदारां पयकी ATHAVIS मतदारांनी मतदान केले. ड्युटेक आशिल्ल्या EKTIS सरकारी कर्मचाऱ्यांनी मतदान KELE

Mandre health 50

मांद्रे मतदारसंघात के.एल. ई. हॉस्पिटल बेळगावच्या जोडपालवान आमदार जीत आरोलकार हांणी 28 एप्रिलाक मेगा हॅल्थ कॅम्पाचे आयोजन केला. ह्या हॅल्थकॅम्पात 28 ओपीडी आसतल्यो, जाल्यार बेल्थ कॅम्प सकाळी 9 ते दनपरा 2 मेरेन आयोजित केला अशी म्हायती आमदार जीत आरोलकार हांणी दिल्या. ह्या हॅल्थ कॅम्पात , इसीजी, इको, दोळे, काळजाची तशेचं हेर उपचार विनाशुल्क दितले.

MAHESH

जन विश्वास विधेयक, २०२६ हाचो मुखेल हेत म्हळ्यार  कायदे सोपे करप विश्वास घट्ट करप  आसा. एकुण अयशी  केंद्रीय कायद्यांमदल्या १००० परस अधिक किरकोळ गुन्याव गु न्यावगारीमुक्त करपाचो हो प्रस्ताव आसा. ७१७ तरतुदींमदी बंदखणी वाट्याचो दिवाणी दंड वा प्रशासकीय कारवाईची तरतूद आसा. दिसपट्या किरकोळ चुकां खातीर फौजदारी खटल्यां वाट्याचे नागरिक-स्नेही सुधारणां,खटलो चलोवपा वाट्याचे टप्प्याटप्प्यान अंमलबजावणी सयत स्नेही अनुपालन,३० दिसांची ड्रायव्हिंग लायसन्स खातीर सवलत मुदत आणि सोपे महानगरपालिका नियम यांसारख्या जीवनमान सुलभतेच्यो उपाय येवजण्यो अशो तरतुदी आसपा आसपावतात

. **SUBHASH**

राज्य रसायनशास्त्र शिक्षक संघटनेन गोवा विद्यापीठाच्या स्कूल ऑफ केमिस्ट्रि विभागाच्या पालवान वन्सुकी परीशद तशेच कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. ही २३वी परीशद ११ एप्रिल दिसा गोवा विद्यापीठाच्या रसायनशास्त्र सभाघरात जातली.

Easter Bishop 90

काल देश भरासयत गोयातुय इस्टर व्हडा उमेदीन आनी भक्ती भावान मनयलो. हे निमतान कार्डीनल आर्च बिशप  फीलीप  नेरी फेर्राव हांणी  गोंयच्या जनतेक  इस्टरांची परबी  दिली. इस्टर  परब  ही काळखाचेर उजवाडाचे जैत अशे तांणी म्हणले.  Byte

Dengue

राज्य भलायकी खात्यान डेंग्यूचेर नियंत्रण दवरपाक बरें येश जोडलां अशी माहिती राष्ट्रीय व्हेक्टर बॉर्न रोग नियंत्रण कार्यावळीची उपसंचालक डॉक्टर कल्पना महात्मे हांणी दिली. ह्या मार्च म्हयन्यात फकत ४ दुयेंती सापडल्यात जाल्यार पोरुं हो आंकडो ७ आशिल्लो . मार्च 2026त मडगाव कासवली आणि कुडतरी हांगा दरेकी एक दुयेंती सापडलो. ह्या वर्साच्या पयल्या ३ म्हयन्यांत सापडील्ले दुयेंती स्थलांतरीत वा कामगार वसणुकांनी मेळळ्यात. डेंग्यूचेर नियंत्रण दवरपाक सप्तकात/ल्यान दोन फावटी घरांत जमिल्ले उदक निवळ करप गरजेचे आसा ASHE डॉ. महात्मे हांणी सांगले. **हेर राज्यांतल्या डेंग्यू हॉट/स्पॉटांतल्यान स्थलांतरीत कामगार राज्यांत येवपाक लागल्यात म्हणून राज्यांत डेंग्यूचे दुयेंती सांपडपाक लागल्यात.**

SPORTS

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं बेंगळुरूच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमांत जाल्ले खेळांत रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून चेन्नई सुपर किंग्स पंगडाक त्रेचाळीस धांवड्यांनी हारयलो.

WEATHER

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान TETTIS PUJY EK DEGREE सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान TEVIS PUJY AATH DEGREE सेल्सियस इतले नोंद जाला.